# <u>विद्यार्थी संसद सर्तीचे उकतावण</u>

ता. 20 जानेवारी 2020

संसद ही लोकशाय देशाचो केंद्रबिंदू,संसदेंच्या माचयेर कायदे पास जातात, देशाचो अर्थसंकल्प पास जाता आनी खासदार लोकहिताचे आनी म्हत्वाचे प्रस्न मांडटात, अशें गोंय विधानसभेचे सभापती श्री. राजेश पाटणेकर हांणी आयज सचिवालयात विद्यार्थी संसद सर्तीच्या उकतावण कार्यक्रमात उलयताना सांगले.

विद्यार्थांमदीं लोकशाय संकल्पना आनी वेवस्थेची जाणीव आनी नेतृत्व कौशल्य निर्माण करप हो विद्यार्थी संसद सर्तीचो उद्देश आसा. अशा सर्तीतल्यान विद्यार्थ्यांमदी नेतृत्वगुण वाडिक लागता आनी फुडारांत तांका देशाची आनी जनतेची सेवा करपाक ताचो फायदो जाता. संसदीय लोकप्रतिनिधी हो आपल्या मतदारसंघातल्या लोकांचे, आपल्या पक्षाचे आनी देशाचे प्रतिनिधीत्व करता आनी ते खातीर संसदीय लोकप्रतिनिधीक लोकशाय वेवस्थेचो अभ्यास आसपाक जाय, अशेंय श्री. पाटणेकर हांणी ह्या वेळार सांगले.

गोंय विधीमंडळ सचिवालय सचिव नम्रता उल्मन, गोंय विधीमंडळ मंचाचे सचिव आनी आदले आमदार श्री. मोहन आमशेकर, आदले खासदार श्री. जॉन फर्नांडिस, आदले आमदार श्री. विक्टर गोन्साल्विस, श्री. सदानंद मळीक आनी हेर मानेस्त ह्या वेळार उपस्थित आशिल्ले.

म्हा /सप/ जाँआ/ विगां/ 2020/55

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA